राष्ट्रीय खबरो राजश्री कामत 22.05.2025 @ 8.40 am

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी राजश्री कामत तुमका राष्ट्रीय खबरो दीता. हयो आसात काय मुखेल खबरो

..प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राजस्थानांतल्या बीकानेरात जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले, उक्तावण करतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले
..अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मध्य प्रदेशांत स नवी अमृत रेल्वे स्टेशन व्हर्च्युअल पद्धतीन सुरू करतले
..पाकिस्तान पुरस्कृत आतंकवाद उकताडार हाडपा खातीर भारतान आक्रमक जागतीक मोहीम सुरू केल्या.
..गोय भेटीर आशीले उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी मुरगाव बंदरांतल्या महत्त्वाच्या प्रकल्पांचे उक्तावण करून ते प्रकल्प देशाक समर्पित केलें.
..कैंद्रीय रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी 23 मे क गोयात नवीन झुआरी पुलावेल्या प्रतिष्ठित वेधशाळा मनोऱ्याचे भूमीपूजन करतले.
..भारतिय हवामान खात्यान कर्नाटक आनी लागसारच्या तमिळनाडू, कोंकण, गोंय आनी महाराष्ट्रांत दडकानी पावस पडपाची शिटकावणी दिल्या.

मोदी 80
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राजस्थानांतल्या बीकानेराक भेट दितले. थंय ते 26 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले, उक्तावण करतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले. हया प्रकल्पांत रेल्वे, रस्ते, वीज, उदक, आनी नवी आनी नवीकरणीय उर्जा क्षेत्रांचो आस्पाव जाता. तशेंच प्रधानमंत्री आपल्या भेटी वेळार 18 राज्यांनी आनी कैंद्रशासित प्रदेशांतल्या 86 जिल्ह्यांतल्या 103 पुनर्विकसित अमृत स्टेशनांचें उक्तावण करतले. तातूंतले १९ स्टेशना उत्तर प्रदेशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी आसून प्रवाशांचो प्रवास अणभव सुदारपाच्या हेतान आधुनीक सुविधा दिवपा खातीर पुराय सुसज्ज आसात.

वैष्णव 75

अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला पुनर्विकासा खातीर 1300 परस चड रेल्वे स्टेशनां वेचल्यांत अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. काल बीकानेरांतल्या नव्यान विकसीत केल्ल्या देशनोके अमृत स्टेशनाक भेट दितना पत्रकारां कडेन संवाद सादतना केंद्रीय मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें की वाठारांतल्या थळाव्या सांस्कृतीक दायजाचो आनी वास्तुकलेचो आस्पाव करून देशनोके स्टेशनाची उदरगत केल्या. ह्या पयल्या टप्प्या उपरांत फुडल्या आठ म्हयन्यांत आनीक 100 अमृत स्टेशनां बांदतले आनी अशा सुमार 500 स्टेशनांचो पुनर्विकास 2027 मेरेन पुराय जातलो अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

मोदी 70

अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मध्य प्रदेशांत स नवी अमृत रेल्वे स्टेशन कटनी साउथ, श्रीधाम, नर्मदापुरम, शाजापूर, सिओनी आनी ओर्छा व्हर्च्युअल पद्धतीन सुरू करतले. वेव्हारीक गरजो तशेंच प्रादेशिक संस्कृतीक खाशेलपणां मतींत दवरून 86 कोटी रुपयां परस चड खर्च करून हीं केंद्रां विकसीत केल्यांत. ह्या केंद्रांनी विकसीत केल्ल्या प्रवासी अनुकूल सुविधांनी खाशेले प्रवेशदार, बरी प्रकाशयोजना, नव्यान बांदिल्ले प्लॅटफॉर्म, आलिशान प्रतीक्षालय, तिकीट सेवा, इलॅक्ट्रॉनीक प्रदर्शन आनी नितळसाण सुविधा हांचो आस्पाव जाता.

झा 80

पाकिस्तान पुरस्कृत आतंकवाद उकताडार हाडपा खातीर भारतान आक्रमक जागतीक मोहीम सुरू केल्या. काल दोन सर्वपक्षीय शिष्टमंडळां णव देशांत वचपा खातीर भायर सरलीं. ऑपरेशन सिंदूर वेल्या भारताच्या राजनयिक पांवड्याचो एक भाग म्हूण JDUचे खासदार संजय कुमार झा हांच्या फुडारपणा खाला सर्वपक्षीय शिश्टमंडळ इंडोनेशिया, मलेशिया, दक्षिण कोरिया, जपान आनी सिंगापूर ह्या देशांतल्या पांच देशाच्या भोंवडे खातीर भायर सरलें. शिवसेनेचे खासदार श्रीकांत शिंदे हांच्या फुडारपणा खाला आनीक एक शिश्टमंडळ युएई, लायबेरिया, काँगो आनी सिएरा लिओनाक भेट दिवन सगळ्या प्रकारच्या आतंकवादाआड लडपाचो नवी दिल्लीचो संकल्प उक्तायतले

जयशंकर 65

काल कोपनहेगनांत परराश्ट्र मंत्री डो एस जयशंकर हांणी डॅन्मार्काचे उद्देग, वेवसाय आनी अर्थीक वेव्हार मंत्री मॉर्टन बोड्सकोव ह्यांची भेट घेतली. सद्याचे सहकार्याचे वाठार घटमूट करप आनी नव्या शक्यताय सोदून काडपाचेर ताणी चर्चा केली.तशेंच परराश्ट्र मंत्री जयशंकर हांणी डेन्मार्कचे संसद अध्यक्ष सोरेन गाडे हांचे कडेय बसका घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्या पोस्टांत भारताक आतंकवादाआड खरपणान लडपाक दिल्या एकचारची आनी भारत-डेन्मार्क संबंद उबारपाक तांणी दिल्ल्या सतत आदाराची तोखणाय केली.

विनय 35

रशियेंतले भारताचे राजदूत विनय कुमार हांणी मॉस्कोंत जाल्ल्या स्ट्रॅटेजिक कम्युनिकेशन्स' ह्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेच्या पुराय अधिवेशनांत उलोवप करतना देशाच्या दळणवळण उद्देगाच्या कामगिरीचेर भर दिलो. मानवी संस्कृतीत दळणवळणाची भूमिका आणि महत्त्व आणि आधुनिक तंत्रज्ञानान दळणवळण कशे बदलला हाचेर ताणी उलोवप केले.

60

गोय भेटीर आशीले उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी मुरगाव बंदरांतल्या महत्त्वाच्या प्रकल्पांचे उक्तावण करून ते प्रकल्प देशाक समर्पित केलें.मुरगावबंदर भारताच्या दर्यावेल्या बळग्याचें प्रतीकआसा अशें ताणी म्हळा अमृत काल व्हिजन 2047 खाला संवसारीक पांवड्यावेलीं बंदरांबांदपाचो सरकाराचो हेत आसा, अशे ताणी मुखार सांगले.आणि  भारतीय तटरक्षक दळाच्या समर्पण, धैर्य आनी सेवेची तोखणाय केली.आज दोनापावल राजभवनार आर्युवेदा उपचिर पद्धत आणि शस्तक्रीयेचे जनक आचार्य श्रुश्रुत आनी आर्युवेदाचे जनक आचार्य चरक हांच्या पुतळ्याचे उप राश्टपतीच्या हस्तुकी उक्तावण जातले.

120

भारतीय नौदलान कारवार हांगा नौदल तळार आयोजित एका समारंभात प्राचीन शिलाई केल्या जहाजाचे औपचारिक नाव हिंद महासागर हुपुन आग्नेय आशियात प्रवास करपी फामाद भारतीय नाविक कौंडिन्य हांच्या नावा वेल्यान INSV कौंडिन्य असे दवरले प्रकल्पाच्या समाप्ती निमित्त केंद्रीय सांस्कृतिक मंत्री गजेंद्र सिंह शेखावत मुखेल सोयरे म्हण अध्यक्षस्थानार आशिल्ले. INSV कौंडिन्य अजिंठा लेण्यांच्या चित्रांत चित्रित केल्या 5 व्या शेकड्यातल्या तारवाचेर आधारित आसा. जुलै 2023त सांस्कृतिक मंत्रालय, भारतीय नौदल आणि मेसर्स होडी इनोव्हेशन्स हांचे मजगती जाल्या त्रिपक्षीय कबलाती वरवी हो प्रकल्प सुरू केल्लो. फेब्रुवारी २०२५ त गोयात हे जहाज लाँच केले. भारतीय नौदलान या प्रकल्पात मध्यवर्ती भूमिका निभायली.नव्यान समाविष्ट केल्या जहाजात खुपशो सांस्कृतिक दृष्ट्या महत्त्वाची वैशिष्ट्य आसात. हे जहाज आता ताच्या मुखावेल्या इतिहासिक टप्प्यार वतले, जातुन या वर्षाच्या अखेरीक गुजरात ते ओमान या प्राचीन व्यापार मार्गार महासागरीय प्रवासाची तयारी आसपावता

140

केंद्रीय रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांच्या हस्तुकी 23 मे क गोयात नवीन झुआरी पुलावेल्या प्रतिष्ठित वेधशाळा मनोऱ्याचे भूमीपूजन जातले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे दूरदर्शी फुडारपण, नितीन गडकरी हांचे अग्रणी पावल आणि गोयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या वचनबद्ध प्रयत्नांनी हे शक्य जाला. या प्रकल्पात पॅरिसातल्या आयफेल टॉवरपासून प्रेरणा घेवुन वेधशाळा मनोरे उभारतले. फिरते उपाहारगृह आणि कलादालन हांचो आसपाव आसा.

दोन विस्तीर्ण मजले आसतले, जातुन चडपाक कॅप्सूल लिफ्ट आसतली. व्ह्यूइंग गॅलरी, कॅफेटेरिया आणि अत्याधुनिक पर्यटक सुविधांनी परिपूर्ण आशिल्ले हे मनोरे एक समग्र अणभव दितले. दर्याच्या दोशी वटेन 7.50 मीटर वाहक रुंदीचो समर्पित वॉकवे पूल बांधतले,. पुलाच्या दोन्ही टोकांर पार्किंग सुविधा उपलब्ध करतले. या प्रकल्पाक लागुन गोयातले पर्यटन आणि आर्थिक स्थितीत लक्षणीय वाढ जावपाची अपेक्षा आसा, तसेच प्रत्यक्ष आणि अप्रत्यक्ष रोजगाराचयो संधी निर्माण जातल्यो आनी भारताची मुळाव्या सुविधांर आधारित जागतिक प्रतिमा उंचावतली. शिवाय, आंतरराष्ट्रीय नकाशार वास्तुशिल्पीय पर्यटन आणि अनुभवात्मक प्रवासा खातीर एक प्रमुख सुवात म्हण गोयाक स्थान मेळतले

110

राष्ट्रीय अनुसूचित जमाती आयोग तीन दिसांच्या गोय दौऱ्यार आयल्यात. आयोगाचे अध्यक्ष अंतार सिंग आर्य हांच्या  फुडारपणा खालच्या आयोगान तीन दिस राज्यस्तरीय नियाळ घेतलो पणजेत घेतीलया  पत्रकार परिषदेत आयोगाचे ज्येष्ठ सदस्य निरुपम चकमा आणि डॉ आशा लाकरा उपस्थित आशिले. आदिवासी समुदायातल्या तरणाटयांनी मुखेल प्रवाहात सक्रिय सहभाग घेतल्यार विकास आणि प्रगती जावपाक हातभार लागतलो अशे ताणी म्हणले. गोयात खुपशा आदिवासी व्यक्तीक जमीनदारांकडच्यान ना हरकत प्रमाणपत्रा मेळपाक अडचणी येतात, जाका लागुन तांका सरकारी येवजण्यो आणि लाभ मेळपाक आडमेळी येतात जाका लागुन आदिवासीं क जमिनीचे स्वामित्व हक्क (जमीन मालकी हक्क) प्रदान करप या बाबतय आयोगान राज्य सरकाराक सकारात्मक कारवाय करपाचे निर्देश दिल्यात.  आयोगान सगल्यो सूचना आणि अभिप्रायांचे दस्तऐवजीकरण केला आणि त्या संबंधीचो शिफारस अहवाल तयार करून राष्ट्रपतींक सादर करतले.

हवामान 100

अंदूच्या वर्साचे सुरवेक नैऋत्य पावस येवपाची शक्यताय आसा, आनी फुडल्या 2 ते 3 दिसांनी तो केरळांत पावपाची शक्यताय आसा अशें भारत हवामान खात्यान सांगलां. भारतिय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या 2-3 दिसांत महाराष्ट्र, कोंकण, गोंय आनी गुजरात हांगा खूब व्हड ते दडकानी पावस पडपाची शक्यताय आसा. आयतारा मेरेन भारताच्या ईशान्य वाठारांतल्या आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा वाठारांनी आणि फाल्यां मेरेन अस्तंत बंगाल, बिहार, झारखंड आनी उत्तराखंडांतय व्हड पावस पडपाची शिटकावणी आयएमडीन दिल्या. गोंयांत 21 मे ते 26 मे ह्या काळांत पावसाळी हालचाली वाडपाची शक्यताय आसा. गोयात कांय सुवातींनी घोंग्यानी पावस पडपाची शक्यताय आसा अशे गोय वेधशाळेन म्हणला.

क्रिकेट 65

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत दिल्ली कॅपिटल्साक 59 धांवड्यांनी हारयले उपरांत मुंबय इंडियन्स हो प्लेऑफांत प्रवेश करपी चवथो आनी निमाणो पंगड थारला. देखून आयपीएल 2025 वर्साचो दिल्ली कॅपिटल्सचो प्रवास सोंपला. पयली फलंदाजी करपाक आपयले उपरांत यजमान मुंबयन निर्धारीत 20 षटकांनी 5 गडे वगडावन 180 धांवड्यो केल्यो. ताका जाप दितना मुंबयच्या गोलंदाजी मुखार दिल्लीची फलंदाजी फळी कोसळ्ळी आणि १८.२ षटकांत फक्त १२१ धांवड्यचेरूच खेल खलास जालो

शूटिंग 70

नेमबाजीत, एड्रियन कर्मकारान काल जर्मनींतल्या सुहल शारांत जाल्ल्या आयएसएसएफ ज्युनियर वर्ल्ड कपांत 50 मीटर रायफल प्रॉन सर्तींत रुप्या पदक जिखून भारताचें पदक खातें उगडलें. 20 वर्सां पिरायेच्या ह्या खेळगड्यान 626.7 गूण मेळयले आनी भांगरा पदक जिखपी स्विडनाच्या जेस्पर जोहानसनाच्या फाटल्यान फक्त 0.3 गूणन फाटी उरलो. हाचे आदीं संवसारीक सर्तींत भारताच्या कनिश्ट पंगडाचें प्रतिनिधित्व करपी पूण विश्वचषकांत केन्नाच वांटो घेवंक नाशिल्ल्या एड्रियनान आत्मविस्वासान शॉट मारलो एड्रियनाच्या ह्या कामगिरीन ह्या सर्तींत एक नवीन कनिश्ट राष्ट्रीय विक्रमूय केलो.